**मिनेझीस ब्रागांझा संस्थे वतीन साहित्यीक कार्यावळीचें आयोजन**

ता. 25 मार्च 2025

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन संस्कृत दिसाच्या शताब्दी वर्स सुवाळ्याचो एक भाग म्हूण 28 मार्च 2025 दिसा एमईएस महाविद्यालय, वास्को हांच्या जोड पालवान "यादीतलो रविंद्र केळेकार" ह्या साहित्यीक कार्यावळीचें आयोजन केला. सकाळी 10.30 वराचेर महाविद्यालयाच्या सभाघरात कार्यावळ जातली.

गोमन्तकचे संपादक श्री. राजू नायक, प्राचार्य श्रीमती मनस्वी कामत, श्री. सत्यवान नाईक, मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेचे अध्यक्ष श्री. दशरथ परब, श्री. दिलीप बोरकर आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत कार्यावळ जातली. श्री. गिरीष केळेकार "यादीतलो रविंद्र केळेकार" ह्या विशयाचेर उलवप करतले.

कोंकणी साहित्याच्या मळार तरणाट्यांक उर्बा दिवप हो कार्यावळीचो उद्देश आसा. ह्या कार्यावळींत सर्गेस्त रविंद्र केळेकाराचे फोटो आनी पुस्तकांचे प्रदर्शन, कविता वाचन आनी विद्यार्थ्यां खातीर प्रस्नमंजुशा सर्त आयोजीत करतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/273

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.